# PAPER-II
# KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________________
   (Name) ____________________________
2. (Signature) ____________________________
   (Name) ____________________________

OMR Sheet No. : ..............................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |

(In figures as per admission card)

Roll No.____________________________________
(In words)

| D | 8 | 5 | 1 | 0 |
|---|---|---|---|---|

Time : 1 $^1/_4$ hours] [Maximum Marks : **100**

Number of Pages in this Booklet : **8** Number of Questions in this Booklet : **50**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the oval as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** (A) (B) ⬤ (D)
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **Answer Sheet given inside the Paper I Booklet only.** If you mark at any place other than in the ovals in the Answer Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your name or put any mark on any part of the test booklet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and OMR Answer sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के दीर्घवृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   उदाहरण : (A) (B) ⬤ (D)
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये उत्तर-पत्रक पर ही अंकित करने हैं । यदि आप उत्तर पत्रक पर दिये गये दीर्घवृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप उत्तर-पुस्तिका पर अपना नाम या ऐसा कोई भी निशान जिससे आपकी पहचान हो सके, किसी भी भाग पर दर्शाते या अंकित करते हैं तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित कर दिये जायेंगे ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं OMR उत्तर-पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें ।
10. केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।
11. किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।
12. गलत उत्तरों के लिए कोई अंक काटे नहीं जाएँगे ।

# KONKANI
# कोंकणी
## Paper – II
## प्रश्नपत्र – II

**Note :** This paper contains **fifty (50)** objective type questions, each question carrying **two (2)** marks. Attempt all the questions.

**सूचना :** इस प्रश्नपत्र में **पचास** (50) बहु-विकल्पीय प्रश्न हैं । प्रत्येक प्रश्न के **दो** (2) अंक हैं । सभी प्रश्नों के उत्तर दीजिए ।

**सुचोवण्यो :**
(i) ह्या प्रस्नपत्रांत वट्ट **पन्नास** (50) भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.
(ii) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे कुशीक दिल्ल्या A, B, C, D ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षरान दिंवची.
(iii) दर एका प्रस्नाचे सारके जापेक **दोन** (2) गूण दवरल्यात.
(iv) सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो दिंवच्यो.

**1.** मिगेल द आल्मैदा हांचो काळ खंयचो ?
(A) 1615 ते 1683
(B) 1604 ते 1683
(C) 1598 ते 1663
(D) 1560 ते 1633

**2.** हांतुललो खंयचो बरोवपी नाटककार, कादंबरीकार आनी कथाकारय आसा ?
(A) गजानन जोग
(B) चंद्रकान्त केणी
(C) पुंडलिक नायक
(D) दामोदर मावजो

**3.** 'ऋतुचक्र' ह्या पुस्तकाचो आसपाव खंयच्या साहित्यप्रकारांत जाता ?
(A) सैमाच्या वर्णनांत.
(B) ललित लेखांत.
(C) लोक काणयांत.
(D) ऋतुंच्या वर्णनांत.

**4.** 'गोवा कोंकणी अकादेमी' हे संस्थेचे पयले सहायक सचीव कोण ?
(A) भौ. धुमे
(B) भौ. म्हाळशी
(C) भौ. वाझ
(D) भौ. पाडगांवकार

**5.** बरपांतली पात्रां आनी तांचे निर्माते हांच्यो फावो त्यो जोड्यो जमयात.

| | |
|---|---|
| (1) रघलो | (5) देवीदास कदम |
| (2) दीपक | (6) चंद्रकान्त केणी |
| (3) रुक्मिण | (7) मीना काकोडकार |
| (4) विप्रदास | (8) पुंडलिक नायक |
| | (9) दामोदर मावजो |

(A) 1 – 6; 2 – 7; 3 – 9; 4 – 5
(B) 1 – 7; 2 – 5; 3 – 8; 4 – 6
(C) 1 – 8; 2 – 6; 3 – 5; 4 – 9
(D) 1 – 9; 2 – 7; 3 – 5; 4 – 6

6. हें वाक्य कोणे कोणाक म्हळां ? –
‘स्वामी ज्या गावांत येता त्याच गांवचें उदक पिता’
(A) स्वाम्यान गांवातल्या लोकांक
(B) आबून अंकुशाक
(C) अंकुशान गांवकाऱ्यांक
(D) गांवकारांनी आबूक

7. ‘प्रसादाचें फूल’ ही कविता हांतल्या कोणे बरयल्या ?
(A) पांडुरंग भांगी
(B) मनोहरराय सरदेसाय
(C) माधव बोरकार
(D) रमेश बेळुस्कार

8. हांतूतली योग्य जोडी खंयची तें बरयात.
(A) कथा अरुण – गोवा कोंकणी अकादेमी
(B) देवकापसाची वात – जाग प्रकाशन
(C) दवरणें – चिन्तन प्रकाशन
(D) तीन दसकां – केदार प्रकाशन गृह

9. ‘कर्णपर्व’ हें नाटक कोणें बरयलां ?
(A) गोकुळदास प्रभु
(B) ओलिविन्यु गोमिश
(C) उदय भेंब्रे
(D) हनुमन्त चोपडेकार

10. ‘तोंडांत बोट घालप’ हे म्हणीचो योग्य अर्थ खंयचो तो सांगात.
(A) कोणाची पर्वा करप ना.
(B) बोट चोखप.
(C) भिवन धामाधूम जावप.
(D) अजापित जावप.

11. सकयल्या समासिक शब्दांतल्यान द्वंद्व समास खंयचो तें वळखात.
(A) चंद्रोदय
(B) त्रिलोक
(C) लंबोदर
(D) हातपाय

12. गोदुबाय केळेकार हिणे भुरग्यांखातीर खंयचें पुस्तक बरयलां ?
(A) रानसुन्दरी
(B) फुलत्यो कळयो
(C) जादुचो जुंवो
(D) फुलपाकुलें

13. सकयल दिल्ल्या विधानाचो योग्य पर्याय वेंचून काडात. – गोंय पुर्तुगेजांच्या राजवटीखाला आशिल्लें तेन्ना –
(A) पोर्तुगाल आनी इग्लंड हीच कोंकणीच्या साहित्यिक चळवळीची केंद्रा उरलीं.
(B) मुंबय आनी मंगळूर हीच कोंकणीच्या साहित्यिक आनी भाशिक चळवळीची केंद्रां उरलीं.
(C) मुंबय आनी मंगळूर हीच कोंकणीच्या भाशिक चळवळीची केंद्रां उरलीं.
(D) कोचीन आनी कराची ही कोंकणीच्या भाशिक आनी साहित्यिक चळवळीची केंद्रां उरलीं.

14. हांतुतलें खंयचें पुस्तक लोककाणयो ह्या प्रकारांत आसपावता ?
(A) यक्षप्रस्न
(B) घोंटेर
(C) राजरत्नां
(D) तबलें

15. विश्वनाथ ह्या संस्कृत पंडितान खंयचो ग्रंथ रचलो ?
(A) काव्यादर्श
(B) ध्वन्यालोक
(C) अलंकारविवेक
(D) साहित्यदर्पण

**16.** 'भांगरसाळ' हें पुस्तक खंयच्या साहित्यप्रकारांत आसपावता ?

(A) नवलिका

(B) कथा

(C) कविता

(D) नाटक

**17.** हांतली फावो ती जोडी खंयची ?

| | |
|---|---|
| (1) झ् | (5) ओंठ यो स्वन |
| (2) च् , ज् | (6) ताळ वो स्वन |
| (3) फ् | (7) दांत-ओंठ यो स्वन |
| (4) त् , थ् | (8) दांत-ताळ वो स्वन |
| | (9) दांतयो स्वन |

(A) 1 – 9; 2 – 6; 3 – 5; 4 – 9

(B) 1 – 5; 2 – 7; 3 – 8; 4 – 6

(C) 1 – 7; 2 – 5; 3 – 9; 4 – 8

(D) 1 – 8; 2 – 7; 3 – 6; 4 – 5

**18.** व्यंजन संधी कशी जाता ?

(A) स्वरांत स्वर भरसून.

(B) विसर्गांत स्वर वा व्यंजन भरसून.

(C) व्यंजनांत स्वर भरसून.

(D) व्यंजनांत स्वर वा व्यंजन भरसून.

**19.** भायल्या आखाती देसांत वचून नोकरी करतल्यांचे प्रस्न मांडपी खंयच्यो दोन नवलकाणयो कोंकणीत आसात ?

(A) युगसांवार आनी अच्छेव.

(B) भोगदंड आनी पाशाणकळी.

(C) भोगदंड आनी कार्मेलीन.

(D) कार्मेलीन आनी दिका.

**20.** काशिनाथ शांबा लोंलयेकार हें हांतल्या कोणाचें लिखणे नांव आसा ?

(A) शिवानंद तेंडुलकार

(B) सदानंद तेंडुलकार

(C) वामन सरदेसाय

(D) प्रसाद लोंलयेकार

**21.** महाश्वेता देवी हांच्या 'अरण्येर अधिकार' ह्या बंगाली पुस्तकाचो कोंकणी अणकार हांतल्या कोणे केला ?

(A) सुमेधा कामत-देसाय

(B) कस्तुरी देसाय

(C) किरण बुडकुले

(D) जयंती नायक

**22.** सकयल दिल्लो अर्थालंकार खंयचो आसा ?

(A) अनुप्रास

(B) यमक

(C) उपमा

(D) श्लेश

**23.** क्रोध हो खंयच्या रसाचो स्थायीभाव जावन आसा ?

(A) भयानक

(B) करुण

(C) वीर

(D) रौद्र

**24.** रविंद्र केळेकार हांच्या साहित्यिक जीणेतल्या भौमानांचो योग्य तो क्रम खंयचो ?

(A) गोमन्त शारदा पुरस्कार, साहित्य अकादमी इनाम, भारतीय भाशा संस्थान सन्मान, ज्ञानपीठ पुरस्कार.

(B) साहित्य अकादमी इनाम, गोमंत शारदा पुरस्कार, भारतीय भाशा संस्थान सन्मान, ज्ञानपीठ पुरस्कार.

(C) भारतीय भाशा संस्थान सन्मान, साहित्य अकादमी इनाम, गोमंत शारदा पुरस्कार, ज्ञानपीठ पुरस्कार.

(D) गोमंत शारदा पुरस्कार, भारतीय भाशा संस्थान पुरस्कार, साहित्य अकादमी इनाम, ज्ञानपीठ पुरस्कार.

25. जनेल, मेज, चावी, पगार हीं उतरां कोंकणीन खंयच्या हेर भाशेंतल्यान आपणायल्यांत ?

(A) लातीन

(B) फ्रेंच

(C) पर्शियन

(D) पुर्तुगेज

26. 'पुनर्जीवित' ह्या ग्रंथाचो बरोवपी कोण ?

(A) रोनाल्ड पेरैरा

(B) लुवीस मस्कारन्हेस

(C) जे.बी. मोरायस

(D) सिल्व्हेस्टर मिनेझिस

27. हांतूतलें कोंकणी लोकगीता विशींचें पुस्तक खंयचें तें वळखात ?

(A) लोकबिंब

(B) गोड्डे रामायण

(C) देवकापसाची वात

(D) पेडणेचो धोल

28. के. बसंतमणि हो कथाकार खंयच्या वाठारातलो ?

(A) मंगळूर

(B) केरळ

(C) कर्नाटक

(D) महाराष्ट्र

29. 'सायकल' हें नाटकुलें कोणे बरयलां ?

(A) मीना सुरेश काकोडकार

(B) एस्.डी. तेंडुलकार

(C) भरत नायक

(D) राजय पवार

30. जे.बी. सिक्वेराचो कविता झेलो खंयचो ?

(A) काळजाचे उमाळे

(B) दोळ्यांतलें किशिर

(C) काजुले

(D) नक्षत्रां

31. पेद्रु कुरैय आफोंस हातल्या खंयचे संस्थेचे पयले अध्यक्ष आसले ?

(A) गोवा कोंकणी अकादमी

(B) व्ही.एम्. साळगांवकार प्रतिष्ठान

(C) अस्मिताय प्रतिष्ठान

(D) कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

32. हांतल्या खंयच्या वाक्यांत क्रियाविशेशण आसा ?

(A) राजू आयलो.

(B) राजू घरांत झपाझप आयलो.

(C) माटवांतली भुरगीं बसलीं.

(D) अविनाशान पुस्तक वाचलें.

33. हांतूतलें खंयचें वाक्य बरोबर आसा ?

(A) कोंकणीतली 'आबे फारीय' ही जीण ओलिविन्यु गोमिश हांणी बरयल्या.

(B) 'पुण्यात्मो राम कामती' ही जीण शांताराम वर्दे वालावलीकार हांणी बरयल्या.

(C) 'मनीसपणाचो ताज-जमनालाल बजाज' ही जीण कमलाकार म्हाळशी हांणी बरयल्या.

(D) 'मनीसपणाचो ताज – जमनालाल बजाज' ही जीण दिलीप बोरकार हांणी बरयल्या.

34. फिलोमेना सैन्फ्रासिस्को खंयच्या साहित्यप्रकारांत लेखन करता ?

(A) कविता

(B) ललित गद्य

(C) तियात्र

(D) कथा

35. गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागाचे पयले विभाग मुखेली हांतले कोण आशिल्ले ?

(A) दो. सरदेसाय

(B) दो. डिसूझा

(C) दो. गॉमिश

(D) दो. महाले

36. नरेंद्र कामत हांणी खंयच्या पुस्तकाचो अणकार केला ?

(A) बिंदुलो बाबु

(B) लावां-भुतां

(C) सात पावलां मळबांत

(D) ताठकणो

37. 'आमोरी अमुरपिकी'चो रचनाकार कोण ?

(A) फेलीक्स कार्दोझ

(B) भालचंद्र गांवकार

(C) तानाजी हळर्णकार

(D) रोमियो मिनेझिस

38. हांतुतलें खंयचें तियात्र तोमाझिन कार्दोज हांणें बरयलां ?

(A) झगझगता तितलेंय भांगर न्हय.

(B) मोग आनी रगत.

(C) तेरे झालो घोव.

(D) पोतुगेस कलवंत.

39. कोंकणी भाशेक पयलो ज्ञानपीठ पुरस्कार खंयच्या दुसऱ्या भाशेसांगातान मेळ्ळो ?

(A) कानडी

(B) उर्दू

(C) संस्कृत

(D) तमिळ

40. फादर फ्रेडी खंयच्या रोमी म्हयनाळ्याचे संपादपी आशिल्ले ?

(A) सोद

(B) गुलाब

(C) सत

(D) पंचकादय

41. 'आपणाल्या आवय भाशेचो मोग रुजपाक जाय जाल्यार सुपुल्ल्या भुरग्यांक कोंकणी भाशेंत शिकोवपाक जाय' हें मत्त हांतल्या कोणालें ?

(A) टी.बी. कुन्ह्य

(B) कुन्ह्य रिव्हार

(C) शणै गोंयबाब

(D) मो. रुदाल्फ दाल्गाद

42. 'अदृश्ट' ह्या नवलिकेचेर आदारुन खंयचो कोंकणी चित्रपट जाला ?

(A) भुंयारातलो मनीस

(B) पलतडचो मनीस

(C) आलिशा

(D) देखणी दुराय

43. 'थांग-अथांग' आनी 'अथांग' हांच्या बरोवप्यांची योग्य नांवां हांतली खंयची आसा ?

(A) माधव बोरकार ; अरुण साखरदांडे

(B) माधव बोरकार ; सु.म. तडकोड

(C) नागेश करमली ; जयंती नायक

(D) जयंती नायक ; शंकर रामाणी

44. र.वि. पंडिताचो 'मोनोग्राफ' हांतल्या कोणे बरयला ?

(A) प्रकाश थळी

(B) सु.म. तडकोड

(C) महाबळेश्वर सैल

(D) हरिश्चंद्र नागवेंकार

45. गोंयच्या लोकांमदें स्वातंत्र्याच्या विचाराची ज्योत पेटोवपाचें पयलें कार्य हांतल्या कोणे केलें ?

(A) पेद्रु आफोंस कुरैय

(B) राम मनोहर लोहिया

(C) नागेश करमली

(D) ज. आल्बान कुतो

सकयल दिल्लो उतारो वाचून, त्या उताऱ्यासकयल दिलल्या प्रस्नांच्यो जापो बरोंवच्यो :

'कोरेज़्मा'चो निमाणो शुक्रार म्हणजे जेजू क्रिस्ताच्या दु:खद, कश्टदायक मरणाचो दीस. ह्या निमाण्या शुक्रारा उपरांत 'पवित्र शेनवार' येता. हे राती सुमार धा वरांचेर गांवातले सगळे किरिस्तांव इगर्जीत वतात आनी प्रार्थना करतात. जेजुच्या मरणाचें सुतक पाळपाखातीर हयादिसा पाद्री मीस म्हणीना. हांतूतल्या विधीचो एक वांटो म्हणून इगर्जीतल्यो मूर्ती आनी खुरीस वस्त्र घालून धांपतात. पणत्यो, मेणवाती पालयतात. पाद्री एक विशेश प्रार्थना करुन चकमकीन नवो उजो तयार करता; आनी ताचेर बेसांव घालता.

नवो उजो तयार करपाचें कारण कितें ? तर जेजूच्या मरणान संवसाराचेर काळोख आयलो. पुण ताणे पुनर्जीवित जावन जगाक परत उजवाड दिलो म्हणून ह्यो वाती नव्यान परत पेटोवपाच्यो. ह्या विधींत मीस सांगतल्या पाद्रीक दुसरो पाद्री एक वात दिता आनी तो पाद्री ते वातीचेर एक खुरीस कातयता आनी तिचेर कांय अक्षरां काडटा. त्या अक्षरांचो अर्थ असो : जेजू काल, आयज आनी सदांकाल. सगळ्यांचो आत्मो आनी अंत थरिल्लो आसा. हाचे उप्रांत पाद्री जेजूच्या पांच घायांच्या यादीक ते वातीक धुपाची पांच मुठलीं खुरसाच्या आकारान तोंपता. नव्या अुज्यान ती वात पेटोवन पाद्री म्हणटा : ख्रिस्ताचो हो अुजवाड महिमेन वयर सरुन आमच्या काळजांतलो आनी मनांतलो काळोख पयस जांव. हे वातीक 'पास्कांची वात' म्हणटात. पास्कांची वात म्हळयार पुनरुज्जीवित जाल्ल्या जेजूचो रुपकार.

**46.** जेजूक्रिस्ताच्या दु:खद, कश्टदायक मरणाचो दीस केन्ना येता ?

(A) कोरेज्माचो निमणो शुक्रार हो दीस.

(B) पवित्र शेनवार हो दीस.

(C) पास्काच्या वाती दिसा.

(D) पयल्याच आयतारा.

**47.** पवित्र शेनवारा दीस इगर्जीत पाद्री मीस म्हणीना कित्याक

(A) तो तांच्या विधीचो एक वांटो आसता.

(B) तशें करुन ते जेजुच्या मरणाचें सुतक पाळटात.

(C) मीस आयकू पाक तेदेवेळार थंय कोणूच आसनात.

(D) इगर्जेंत चकमकीन नवो उजो पेटोवपाचो विधी चलता.

**48.** नवो उजो तयार करपाचें कारण कितें ?

(A) नव्या जल्माक आयिल्ल्या भुरग्यांक बातिज्म दिवपाखातीर.

(B) जेजुच्या मरणान संवसारार काळोख आयलो पुण ताणे पुनर्जीवित जावन परत उजवाड दिलो म्हुण.

(C) आमच्या मना-मनांतलो काळोख पयस करपा खातीर.

(D) नव्या उज्यान संवसाराक थंड आनी शीतळ उजवाड मेळच्या खातीर.

**49.** वातीचेर कातयल्ल्या खुरसाचो आनी अक्षरांचो अर्थ किदें ?

(A) ख्रिस्ताचो उजवाड महिमेन वयर सरुं.

(B) सगळ्यांचे जीवन आनी मरण थारिल्लेंच आसता.

(C) जेजू काल, आयज आनी सदांकाल मात सगळ्यांचो अंत थारिल्लो आसता.

(D) पुनर्जीवित जाल्ल्या जेजुचें बेसांव तुमचेर पडूं.

**50.** 'पास्कांची वात' म्हळयार किदें ?

(A) पुनर्जीवित जाल्ल्या जेजूचो रुपकार.

(B) जेजूच्या मरणाचो उजवाड.

(C) पवित्र शेनवाराची वात.

(D) कोरेज्माच्या आरंबीची कुरु.

**Space For Rough Work**